√

# गोवा कोंकणी अकादेमी

## क्लारिस्सा व्हाज ई मोरेनास कोंकणी संशोधनवृत्ती

### अर्जीपत्र

1. नांव : -----------------------------------
2. पुराय पत्तो : -----------------------------------
-----------------------------------
3. टेलीफोन : -----------------------------------
ई- मेल :-----------------------------------
4. शिक्षण( पदवेची प्रत जोडची) :-----------------------------------
5. व्यवसाय/नोकरी/ धंदो :-----------------------------------
6. संशोधनाचो विशय :-----------------------------------
( ह्या विशयाचो थोडेभितर
नियाळ ह्या अर्जिपत्राक वांगडा जोडचो)
7. हाचे आदीं संशोधन केलां ? :-----------------------------------
( केलां आसत जाल्यार तेविशींची
म्हायती जोडची )
8. आनीक कितेंय सांगचे आसा ? :-----------------------------------
(जाय जाल्यार वेगळे बरोवन जोडचें)

ता. ---------------- --------------

सय

(अर्जीपत्र पावपाची निमणी तारीख - 5/10/2023 ------------------------ )

--------------------------------------------------------

गोवा कोंकणी अकादेमीचे क्लारिस्सा व्हाज ई मोरेनास कोंकणी संशोधनवृत्ती विशींची नेमावळ हांवे वाचल्या. ती हांव मानून घेतां आनी ते नेमावळीक पाळो दिवपाचें उतर दिता.

--------------

सय

# गोवा कोंकणी अकादेमी

## क्लारिस्सा व्हाज ई मोरेनास कोंकणी संशोधनवृत्ती

## प्रस्ताविका

### नेमावळ

चांदर गांवचे श्री.झेनायदीस आर.ई.टी. मोरेनास हांणी अकादेमीकडेन निधी दवरुन आपणाली आवय स.क्लारिस्सा व्हाज ई मोरेनास हांच्या नांवान कोंकणी भाशेच्या संशोधनापासत संशोधनवृत्ती दिवची असो प्रस्ताव मांडलो. अकादेमीन तो मानून घेवन तांणी दिल्ल्या निधीची गुंतवणूक केल्यां आनी काळंतराच्या दुडवांतल्यान संशोधनवृत्ती दिवपाची येवजण आंखल्या.

1. संशोधनवृत्तीचें नांव आसतलें 'क्लारिस्सा व्हाज ई मोरेनास कोंकणी संशोधन वृत्ती '

2. अकादेमी दर दोन वर्साखातीर 30,000/- रुपयांची संशोधन वृत्ती दितली. आरंभ 2003 ते 2005 ह्या वर्सापासून जाल्या.

3. जे व्यक्तीन खंयच्याय विद्यापिठाची कसल्याय विशयांतली पदवी घेतिल्ली आसा ते व्यक्तीक संशोधनवृत्तीखातीर अर्ज करुंक मेळटलो. गरज दिसली जाल्यार ही पात्रताय सदळ करपाचो अधिकार अकादेमीच्या कार्यकारी मंडळाक आसतलो.

4. संशोधन कोंकणीविशीं आसूंक जाय आनी तें कोंकणी भाशेंत बरोवन काडूंक जाय.

5. ज्या दोन-वर्सुकी काळापासून संशोधनवृत्ती दिल्ली आसत त्या काळाभितर संशोधन पूर्ण करूंक जाय.

6. अर्जदारान अकादेमीन तयार केल्ल्या अर्जिपत्रा वरवीं अर्ज करचो पडटलो आनी अर्जीपत्रांत मागिल्ली पुराय म्हायती अर्जीपत्रा वांगडा दिवची पडटली.

7. ज्या विशयाचेर संशोधन करपाक अर्जदाराक संशोधनवृत्ती दिल्या,त्याच विशयावयल्या संशोधनापासत ताणें आनीक खंयचेय संस्थेकडल्यान अनुदान / संशोधनवृत्ती घेतिल्ली आसूंक फावना.

8. संशोधनाखातीर विशय वेंचून काडटना सकयल दिल्ल्या विशयां मदल्यान तो काडूं येता. मात अर्जदाराक हेर कसलोय विशय जाय आसत जाल्यार तो सुचोवंक मेकळीक आसतली. तशेंच अकादेमीक दितलें जाल्यार अकादेमी आनीक विशय सुचोवंक मेकळीक आसतली.

- कोंकणी भाशेचो इतिहास.
- पोरणी कोंकणी आनी आधुनीक कोंकणीची उदरगत.
- पोरण्या आनी आयच्या संदर्भात कोंकणीचें नादशात्त्र. आयची उच्चाराची रीत आनी नादशास्त्राची उत्क्रांती.
- व्युत्पत्तीशास्त्राक (Etymology) क धरून कोंकणी उतरांच्या मुळांचो सोद घेवपी अभ्यासः अर्थविज्ञानाचे ( Semartics) बसकेचेर केल्लो कोंकणी उतरावळीचो अभ्यासः कोंकणी उतरांचो अर्थ- बदलपाचो अभ्यास.
- कोंकणी उतरावळीचेर जाल्लो हेर भासांचो प्रभावः कोंकणींतल्या उश्ण्या उतरांचो अभ्यासः कोंकणी उतरावळींत पडिल्ली नवी भर आनी कोंकणीतली ना जावन गेल्ली / काळा भायली उतरां.
- कोंकणी उतरांचे आनी वाक्यांचे व्याकरणीक बांदावळीचो अभ्यासः कोंकणी संधी, कोंकणी समाज, तेच प्रमाण, लिंग / वचन / विभक्ती / काळाचीं कुसा लागिल्ल्या उतराचे बांदावळीचो अभ्यास पदबंध (Phrase) आनी वाक्याचे बांदावळीचो अभ्यास.
- परिभाशीक उतरावळी आनी वेवसायीक उतरावळी : वेगळ्या वेगळ्या मळांक / शास्त्रांक गरजेच्यो आशिल्ल्यो परिभाशीक उतरावळी तयार करपः कोंकणी वेवसायांतल्यो (शेतकाम, रेंदेर, पदेर, गंवडे काम बी) खाशेल्यो उतरावळी एकठांय करप.
- कोंकणी शुध्दलेखन
- साहित्य- समिक्षा, मोलावणी, इतिहासीक वा तुळात्मक.

9. अकादेमीन नेमल्ली निरीक्षण समिती अर्ज तपासून योग्य अर्जाची शिफारस कार्यकारी मंडळाक करतली आनी कार्यकारी मंडळ ते शिफारशीचेर निर्णय घेतलें. संशोधनाच्या वावराचेर निरीक्षण समिती नदर दवरतली आनी त्या त्या वेळार फवो त्यो शिफारशी कार्यकारी मंडळाक करतली.

10. संशोधनवृत्तीचे दुडू अकादेमी चार हप्त्यांनी दितली, पूण दर एक हप्तो दिवचे आदीं निरीक्षण समितीची शिफारस मतींत घेतली. दर एक हप्तो 10,000/- रूपयांचो आसतलो.

11. संशोधनवृत्ती घेतिल्ल्या उमेदवारान दर स म्हयन्यांनी केल्ल्या वावराचो लिखीत अहवाल दिवचो पडटलो आनी दोन वर्सांचे अखेरेक संशोधन पूर्ण जातकच ताचें पुराय बरप अकादेमीक दिवचें पडटलें.

12. संशोधनवृत्ती घेतिल्ल्या उमेदवारान संशोधनाच्या वावरांत प्रगती दाखयली ना जाल्यार आनी निरीक्षण समितीन संशोधनवृत्ती थांबोवपाची शिफारस केली जाल्यार संशोधनवृत्ती खंयच्याच वेळार फाटीं घेवपाचो अधिकार अकादेमीक आसतलो.

13. संशोधनवृत्ती घेतिल्ल्या उमेदवारान तोच प्रकल्प हेर खंयचेच संस्थेक दुसरे संशोधनवृत्ती पासत धाडूंक फावना.

14. संशोधनवृत्ती घेतिल्ल्या उमेदवारान संशोधन पूर्ण करुन दिल्लें बरप अकादेमीचे संशोधन पत्रिकेंत वा वेगळ्या रूपांत छापून उजवाडावपाचो अधिकार अकादेमीक आसतलो. उमेदवाराक जाय आसत जाल्यार तें बरप हेरकडेन उजवाडा हाडपाची मेकळीक ताका / तिका आसतली. मात तें संशोधन गोवा कोंकणी अकादेमीच्या क्लारिस्सा व्हाज ई मोरेनास कोंकणी संशोधनवृत्तीच्या पालवान केलां असो स्पश्ट उल्लेख करचो पडटलो.

********